**"धरोहर" जलरंग शिबीराचे आयोजन**

ता. 9 सप्टेंबर 2022

गोंय सरकाराच्या कला आनी संस्कृती संचालनालयान पश्चिम विभाग सांस्कृतीक केंद्र, उदयपूर राजस्थान हांच्या जोड पालवान ता.10 ते 15 सप्टेंबर 2022 मेरेन संस्कृती भवन, पाटो-पणजी हांगा "धरोहर" ह्या स दिसांच्या जलरंग शिबीराचे आयोजन केला. भारत आनी गोंय भरांतल्या कलाकारांक आमंत्रीत करून राज्यांतल्या वारसा थळांचे सचित्रीकरण करपा खातीर हे शिबीर एक सर्जनशील संकल्पना आसा.

10 सप्टेंबर 2022 दिसा सकाळी 11.30 वरांचेर संस्कृती भवनातल्या मल्टिपर्पज हॉलांत पश्चिम विभाग सांस्कृतीक केंद्राच्यो संचालक श्रीमती किरण सोनी गुप्ता आनी हेर मानेस्तांच्या उपस्थितीत शिबीराचे उक्तावण जातले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/516

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji